NATIONAL NEWS ON 3 RD

JAN 2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शेनवारा नवी दिल्लीच्या राय पिठोरा सांस्कृतीक संकुलांत पवित्र पिप्रहव अवशेशांच्या प्रदर्शनाचे उक्तावण करतले. एकुणिसाव्या शेंकड्यांत सोदून काडिल्ले पिप्रहव अवशेश शाक्य वंशांतल्या गौतम बुध्दाचे आसात अशें मानतात. तांचें स्वदेशी प्रत्यारोपण आनी भौशीक प्रदर्शन हें देशाचें सांस्कृतीक दायज सांबाळपाचे आनी बुध्दाच्या शिकवणेंत मुखार आयिल्ल्या शांतताय, करुणा आनी प्रबोधन हांच्या सार्वत्रिक मुल्यांक चालना दिवपाच्या देशाच्या सतत यत्नांचे प्रतिबिंब आसा.ह्या पवित्र अवशेशांनी इतिहासीक, पुरातत्वीय आनी आध्यात्मिक म्हत्व आशिल्ल्यान ही कार्यावळ देशाच्या सांस्कृतीक आनी राजकी इतिहासांतलो म्हत्वाचो खीण थारता अशें संस्कृती मंत्रालयान म्हणला सांगलें.

उत्तर प्रदेशांतल्या अयोध्यत राम लल्लाच्या प्राण प्रतिष्ठच्या दुसऱ्या वर्सा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्राक परबीं दिल्यात .

मजगती संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज अयोध्याच्या राम मंदिर संकुलांत आशिल्ल्या अन्नपूर्णा देवळाच्या शिखराचेर ध्वज उबारलो. तशेच हे निमतान आयोजीत केल्ल्या खाशेल्या प्रार्थना सेवेंतय ताणें वांटो घेतिल्लो. ह्या वेळार उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथय हाजीर आशिल्ले.राम देवळ संकुलांतल्या सात देवळांमदीं अन्नपूर्णा देवूळ हें एक देवूळ

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज दोन म्हामार्ग प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या - तातुत स लेन नासिक-सोलापूर कॉरिडोर आनी ओडिशाचो राष्ट्रीय म्हामार्ग 326 रुंदीकरणचो आस्पाव जाता . महाराष्ट्रत 6 लेन ग्रीनफील्ड प्रवेश नियंत्रीत नासिक-सोलापूर-अक्कलकोट कॉरिडोर बांदपाक अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन मान्यताय दिल्या. 374 किमी.लांबायेच्या ह्या

म्हामार्ग वट्ट 19,142 कोटी रुपया भांडवल खर्च येतलो अशे  नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हणला

तशेंच ओडिशांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग  हायवे 326 च्या सद्याचो  रस्त रुंद आनी घटमूट करून 2 लेन रस्तो करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या.

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ म्हल्यार CBSEन 10 आनी 12  बोर्ड परीक्षांच्या सुदारीत तारखां जाहीर केल्या. सीबीएसईच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या वर्सा 3 मार्चाक जावपा आशिल्ली धावीची परिक्षा आतां 11 मार्चाक जातली. जाल्यार  12 वेची परिक्षेची तारीख 10 एप्रीलमेरेन फुढे ढकल्यात, जी 3 मार्च 2026 दिसा जावपाची आशिल्ली.प्रशासनिक कारणांक लागून तारखांत  बदल केंल्यात अशें मंडळान सांगलें. शाळांनी ही म्हायती सगल्या संबंदीत विद्याथ्र्यांक आनी पालकांक दिवची अशें सीबीएसईन सांगलां.

देशाच्या उत्तर वाठारांनी दाट धुक्याकलागून रेल्वे आनी हवाई येरादारीचेर परिणाम जाला. दिल्ली रेल्वेच्या म्हणण्या प्रमाण दिल्लीक वचपी 50 परस चड गाडयो उसरां चलतात. तेच प्रमाण वायट हवामानाक लागून विमान येरादारीचेरूय परिणाम जाला. दिल्ली विमानतळाच्या म्हणण्या प्रमाण दाट धुकें आनी उणी दृश्य मान्यताये करणान आयज 148 विमान सेवा रद्द जाल्यात.

ह्यावरसा  सरकारान जायत्यो महत्त्वच्यो सुदारणा केल्यात, ज्यां विकसित भारत २०४७ च्या दिशेने देशाच्या राष्ट्रीय प्रवासातले महत्त्वाचे पावलं आसा  अशे माहिती आनी प्रसारण राज्य मंत्री डॉ एल. मुरुगन हाणी म्हणला. नवी दिल्लीत भारत सरकारचे २०२६ वर्साची दिनदर्शिका जारी करताना ते उलयताले.

एल मुरुगान- कॅलेंडर

हें कॅलेंडर खूब जतनायेन तयार केलां आनी तें खऱ्या अर्थान सरकाराची प्राधान्यां प्रतिबिंबीत करता आनी सरकाराचें संवाद साधन म्हणून विकसीत जालां अशे  म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू हांणी सांगलें,

भारतिय हवामान खात्यान बिहार उदेंत उत्तर प्रदेश आनी हिमाचल प्रदेशांत शियांच्या ल्हांचो अदमास उक्तायला . तशेच  ईशान्य राज्यां अस्तंत बंगाल आनी उत्तराखंदात दाट धुकें पडपाचो अदमास आसा

भारतीय बुध्दिबळ ग्रॅण्डमास्टर अर्जुन एरिगायसी हाणी  काल दोहा हांगा जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय बुध्दिबळ संघटनेचे संवसारीक ब्लिट्ज चॅम्पियनशिपांत कांस्य पदक जीखले .

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्योआमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकोक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावन २५ मिन्तान्चेर